**मुख्यमंत्री हस्तुकीं वाळपय 3 र्या पक्षी महोत्सवाचें उक्तावण**

तारीख 17 जानेवारी, 2020

गोंय रान खात्या वरवीं सत्तरी तालुक्यांत वाळपय आयोजीत केल्ल्या 3र्या गोंय पक्षी महोत्सवाचें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं उक्तावण जालें.

लोकांक असुरक्षीत पक्षा विशीं माहिती करून दिवप म्हत्वाचें आसा. 2020 वर्सा रान खात्या वरवीं 17 ते 19 जानेवारी मजगतीं, सत्तरी तालुक्यांत वाळपय जावपी पक्षी महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळ्या निमतान पक्षी विशीं माहिती दिताले.

ह्या वेळार पक्षी मोगींक मार्गदर्शन करतना, मुख्यमंत्र्यान सांगलें, दर्या देगेवयल्या अंतर्गत भागांतले पर्यटन आनी पक्षी पर्यटनांची उदरगत करतले.गोंयचे रस्ते बरें आशिल्ल्यान बरी पर्यटन स्थळां, दर्या देगे सावन लागींच्या अंतराचेर आसात. रान खात्या वतीन सैम मोगी, तज्ञ, रान अधिकारी, पक्षी छायाचित्रकार हांकां एकठांय हाडून आपले अणभव सांगपाक हें व्यासपीठ उपलब्ध करून दिला अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्रीन मुखार सांगलें, गोंय हें जैवविविधतायेचे नदरेन गिरेस्त राज्य आसून पश्चिम घाटान विणिल्लें आसा. हांगा इको पर्यटन विकसीत जायत आसा ताका लागून मोठ्या प्रमाणान पक्षी वैविध्य पळोवंक मेळटा. आनी ताका लागून पक्षी निरिक्षक पक्षी मोगी खातीर योग्य स्थळ थारता. गोंय हे 450 परस चड पक्षीचे प्रजातीचें घर आसून तातूंत स्थानीक आनी स्थलांतरीत अश्या दोनूय प्रकाराच्या पक्षींचो आसपाव आसा, अशें तांणी म्हणलें.

सुरवेक दिवली पेटोवन ह्या मॅगा उत्सवाचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार प्रधान मुखेल वनपाल श्री. सुभाष चंद्र, (आयएफएस), , महाराष्ट्र सर्कलाचे पोस्ट मास्टर जनरल श्री. विनोद कुमार (आयपीओएस), आनी गोंयचे आयएफएस, एपीसीसीएफ आनी सीडब्ल्यूएलडब्ल्यू श्री. संतोष कुमार हाजीर आशिल्ले.

सुरवातेक मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी पक्षी प्रदर्शनाचें उक्तावण केलें आनी गोंय टपाल प्राधिकारीणीच्या पोस्टल कवरांचें अनावरण केलें.

प्रधान मुखेल वनपाल श्री. सुभाष चंद्र हांणी येवकार दिलो. तशेंच पोस्ट मास्टर जनरल श्री. विनोद कुमार हांणी ह्या वेळार पोस्टल कवरांचें म्हत्व सांगलें.

डॉ. दयानंद राव हांणें सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. कुलदीप शर्मान उपकाराचें उलोवप केलें.

ह्या महोत्सवाक देश विदेशांतले 52 पक्षी मोगी आनी विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले.

DI/NB/PN/SAG/2020/1377

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA